**रस्तो सुरक्षा समितीन “गोल्डन अवर” व्हिडिओ लॉंच केलो**

ता. 18 नोव्हेंबर 2021

उत्तर गोंय जिल्हो संसदीय सदस्यांच्या अध्यक्षते खालच्या उत्तर जिल्हो रस्तो सुरक्षा समितीन हालीच उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयांत आयोजीत कार्यक्रमात उत्तर गोंय अतिरिक्त जिल्हाधिकाऱ्यांच्या हस्तुकीं “गोल्डन अवर” व्हिडिओ लॉच केलो. अपघातात गंभीर जखमी जाल्ल्या व्यक्तिचेर तत्काळ वैजकी उपचार करून तांचो जीव कसो वाटोवप शक्य आसा हे विशीं हो व्हिडिओ आसा. ह्या व्हिडिओत गोल्डन अवर, सुरक्षीत वाहन चलोवपाचे नेम, GVK EMRI 108 सेवेचो प्रतिसाद अशें चित्रिकरण आसा. लोकांमदी “गोल्डन अवर” आनी रस्तो सुरक्षे विशीं जागृताय निर्माण करपा खातीर भलायकी सेवा संचालनालयांन GVK EMRI च्या जोड पालवान हो व्हिडिओ तयार केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/964

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji